# अन्न आनी भौशीक वितरण येवजणेत “म्हजे राशन- म्हजो हक्क” ह्या नवीन वैशिष्ट्याचो आस्पाव

ता. 9 सप्टेंबर 2022

केंद्रीय गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्रालयाच्या अन्न आनी भौशीक वितरण विभागान आपल्या www.nfsa.gov.in ह्या पोर्टलार “म्हजे राशन- म्हजो हक्क” ह्या नवीन वैशिष्ट्याचो आस्पाव केला.

“म्हजे राशन- म्हजो हक्क” ह्या नवीन वैशिष्ट्याचो लाव घेवन कोणीय गरजू/बाकी उरिल्लो नागरिक राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा कायद्या खाला रेशन कार्डाखातीर नोंदणी करपाक शकता. एखादी व्यक्ती गरजू/बाकी उरिल्ल्या लोकांच्या वतीन रेशन कार्डाखातीर नोंदणी करपाक “रेशन कार्ड मित्र” जावपाक शकता. आपल्य राज्याव्यतिरिक्त हेर कडेन नोंदणी करपाचीय सुविधा आसा. पंचायत, शारी थळाव्यो संस्था/नगरपालिका वा हेर मान्यताप्राप्त संस्थांचे प्रतिनिधी लेगीत निमंत्रित म्हूण "रेशन कार्ड मित्र" जावपाक शकता. ही सुविधा बेघर, रॅग-पिकर, स्थलांतरीत, विशेश अपंग, वंचित, ज्येष्ठ नागरिक, घरांनी काम करपी आनी हेरांक उपयुक्त आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/518

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji